# <u>समाज सेवक पुरस्काराखातीर अर्ज</u>

ता. 27 ऑक्टोबर 2017
5 कार्तिक 1939

समाज कल्याण संचालनालयान 19 डिसेंबर 2017 दीसा गोंय मुक्तीदीस सुवाळ्यात 12 उत्कृश्ट समाज सेवकांचो सत्कार करपाखातीर गोंयच्या नागरीकाकडल्यान अर्ज मागल्या. प्रत्येक तालूक्यातल्यान एका व्यक्तीची सत्काराखातीर निवड करतले. उत्कृश्ट समाज सेवकांची रोख रू. 25,000, प्रशस्तीपत्र, शाल आनी श्रीफळ भेटोवन सत्कार करतले.

विहित नमुन्यातले अर्ज समाज कल्याण संचालनालय पणजी-गोंय हागा फुकट उपलब्ध आसात. सगळे बाबतीत पूराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकाऱ्यान प्रमाणित केल्ल्या दाखल्यांच्या प्रतीसयत ता. 24 नोव्हेंबर 2017 मेरेन खात्याकडेन पावपाक जाय. राज्य पूरस्कार गोंय मुक्तीदिस सुवाळ्यात मुख्यमंत्र्या हस्तूकीं भेटयतले.

अर्ज आनी चड माहितीखातीर संचालक/पालवी संचालक, समाज कल्याण संचालनालय (फोन नं. 0832-2232257) पणजी हांगा कामाच्या वेळेत संपर्क करचो.